**Panaji regional news 21 feb 2025, 7.20pm**

**पारदर्शकता, जबाबदारी आनी सुशासनाक**

पारदर्शकता, जबाबदारी आनी सुशासनाक चालना दिवपा खातीर माहिती हक्क कायदो हे एक शक्तिशाली साधन आसा, अशें केंद्रीय मुख्य माहिती आयुक्त श्री हिरालाल समारिया हांणी सांगलें. समारिया आयज पाटो पणजी हांगा गोंय राज्य माहिती आयोगाच्या सुदारित वेबसायटीचे उक्तावण केले उपरांत उलयताले.गोंय राज्याचे मुख्य माहिती आयुक्त श्री अरविंद कुमार एच. नायर, राज्य माहिती आयुक्त श्री आत्माराम आर. बर्वे, आयुक्त आनी सचीव (म्हायती आनी प्रसिध्दी) श्री रमेश वर्मा, गोंय राज्य माहिती आयोगाच्यो सचीव श्रीमती सरिता गाडगीळ आनी म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे संचालक श्री दीपक बांदेकर ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.श्री समारिया हांणी फुडें सांगलें की लोकशाय वेवस्थेत मतदारांक सरकारच्या कामांची माहिती आसप गरजेची आसा आनी सरकारी कामांनी पारदर्शकता राखपाक माहिती अधिकार कायदो एक म्हत्वाचे साधन म्हूण काम करता. सरकारी कामांनी पारदर्शकता आसल्यार संबंदीत अधिकाऱ्याची जबाबदारी वाडटा आनी योग्य निर्णय घेवपाक कृती करची पडटा आनी ताचो परिणाम म्हळ्यार सुशासना वाडीक लागता. प्रशासन हे फकत कार्यक्षमच आसून जायना तर नागरिकांच्यो गरजो पूर्ण करपाचेर भर आसपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.राज्याचे मुख्य माहिती आयुक्त श्री. अरविंद कुमार एच. नायर हांणी ह्या वेळार उलयतना सांगलें की

आयोगा मुखार प्रलंबित आशिल्ली प्रकरणां निकालांत काडप हे आमचे प्राधान्य आशिल्ल्याचें सांगून 2025 मेरेन सगळीं प्रलंबित प्रकरणां निकालांत काडपाचे उद्दीश्ट आशिल्ल्याचे सांगलें. प्रत्येक प्रकरणाच्या बाबतीत कमीत कमी सुनावण्यांची मर्यादा दवरून प्रकरणां निकालात काडपाचे आमचे ध्येय आसा, अशेंय तांणी सांगलें.राज्य माहिती आयुक्त श्री आत्माराम आर. बर्वे हांचेय ह्या वेळार भाशण जाले.

**अंदूंच्यान सवी आनी १० वे यत्तेक एनईपी**

अंदूंच्या शिक्षणीक वर्सा सावन यत्ता सवी आनी धावे खातीर राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) लागू जातलें. हे विशींचें परिपत्रक शिक्षण खात्यान जारी केलां. यत्ता सवे खातीर ९, जाल्यार धावे खातीर १० विशय आसतले. सवे खातीर एससीईआरटी वतीन समान पेपर काडटले. तपासणी मात शाळां वतीन जातली. सवी आनी धावे खातीर अंदूंच्यान एनईपी लागू जातली अशी घोशणा आदींच जाल्ली. तरी समितीचे बसकेंत शिक्को मारले उपरांत शिक्षण खात्यान आतां कार्यवाहीचें परिपत्रक जारी केलां. सवे खातीर नवीन पुस्तकां लागू जातलीं. धावे खातीर मात आदलींच पुस्तकां वापरतले.यत्ता सवे खातीर भाशा (कोंकणी/ मराठी), इंग्लीश, हिंदी/ हेर भारतीय भाशा, गणीत, विज्ञान, समाज शास्त्र, वेवसायीक (वोकेशनल) शिक्षण, शरिरीक शिक्षण आनी कला शिक्षण (आर्ट) हे विशय आसतले. तीन भासो आनी

हेर स विशय मेळून ९ विशय जातात.  धावे खातीर णववी प्रमाण तीन भाशा आनी हेर सात विशय आसतले. कोंकणी/ मराठी, इंग्लीश, हिंदी/ भारतीय भाशा, गणीत, विज्ञान, समाज शास्त्र, वेवसायीक (वोकेशनल), शरिरीक शिक्षण, कला शिक्षण आनी इंटर डिसीप्लीनरी शाखा हे विशय आसतले. विशयाचें दरेक वर ४० मिनटांचें आसतलें आनी सप्तकाक ४८ वरां घेवचीं पडटलें.  वर्साचे गरजेचे शिक्षणीक वरां (१२०० वरां) पुराय जावपा खातीर अंदू एप्रील सावन सवी आनी धावेचे वर्ग सुरू करपाचो निर्णय जाला.सृजनसाज कुंकळ्यें, म्हाडोळ ह्या संस्थेन कला आनी संस्कृती खात्याच्या जोडपालवान 'सृजनविस्तार साज गोंयच्या लोककलेचो ' ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या. फाल्यां सां. ६ वरांचेर कुंकळ्येंच्या व्हॉलीबॉल मैदानाचेर ह्या सुवाळ्याचे उक्तावण जातलें. कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर रावतले. मानाचे सोयरे म्हूण जिल्हो पंचायत वांगडी दामोदर नाईक हाजीर रावतले. हेर मानेस्तांमदी सरपंच, वेलिंग प्रियोळ कुंकळ्ये ग्रामपंचायत दिक्षा सतरकर , पंच वांगडी हर्षा गावडे रंगनाथ कुंकळ्येकर हाजीर आसतले अशी माहिती सृजनसाज कुंकळ्यें, म्हाडोळ ह्या संस्थेचे अध्यक्ष सुषमा गावडे ,सचीव गौरेश गावडे ,खजिनदार अस्मिता कुंकळकार आनी संयोजक दुर्गेश कुंकळकार हांणी दिली.

**All india occupational therepist  association**

All india occupational therepist  association ची 62 वी वर्सुकी परीशद octicon 2025 चे उक्तावण राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हांच्या हस्तुकी जाले.ही कार्यावळ कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकर सभाघरात जाली.occupational therepy च्या संशोधनाचेर आधारीत धोरणा तयार जावन तीचो मुळाव्या आरोग्य केद्रांनी तशेंच tertiary health care centers उपचारांनी उपेग जावपाक जाय अशे मत राज्यसभेचे खासदार आनी कार्यावळीचे मुखेल सोयरे सदानंद शेट तानावडे हांणी ह्यावेळार व्यक्त केला.गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयात oncology अभ्यासक्रमात पदव्युत्तर occupational therepist अभ्यासक्रम सुरू करपाचो प्रस्ताव आसा अशी म्हायती गोमैकाॅचे डीन दोतोर शिवानंद बांदेकार हांणी सांगलेह्या परीशदेत occupational therepist चे शिक्षण घेवपी विद्यार्थी,शिक्षक,ह्या वेवसायातले  जाळवणदार तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.ही परीशद 23 फेब्रेर मेरेन चलतली.

**गाेंयच्या भाविकांक घेवन तिसरी रेल्वे आयज प्रयागराज वचपाक भायर सरता**

मडगाव: प्रयागराज हांगा चालू आशिल्ल्या महाकुंभमेळ्याक गोंयासावन सुमार १२०० भाविकांक घेवन आयज राती तिसरी खास रेल्वे गाडी मडगावसावन भायर सरतली.

मेळिल्ले म्हायतीनुसार आयज राती पावणे आठ वरांचेर ही रेल्वे मडगाव रेल्वे स्थानकावयल्यान भायर सरतली. समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हे भाविकांक निराेप दितले.

हे आदी अश्यो दोन खास रेल्वे गाडयो मडगावसावन प्रयागराज हांगा गेल्ल्यो सुमार तीन हजार भाविक तेवरवीं कुंभमेळ्यात वांटेकार जाल्ले. आयज सांजवेळा ही खास गाडी मडगाव रेल्वे स्थानकाचेर येवन थांबिल्ली. सध्या ल्हवू ल्हवू भाविक रेल्वे स्थानकावर येवंन आसात.

**Alcohol anonymous**

**Alcohol anonymous संस्थेन गोयात 50 वर्सा पुराय केला.हे फांटभुयेर मडगाव रवींद्र भवनात 21-24 फेब्रेर ह्या काळात खासा परीशदेचे आयोजन केला.ह्या परीशदेत 1 हजरापरस चड प्रतीनीधीनी वाटो घेतला.**

**बायलांक सोऱ्याच्या व्यसनातल्यान भायर काडप हो ह्या परीशदेचो विशय जांवन आसा .ह्या व्यसनाक लागून मानसिकता आनी neurologyचेर परीणाम करता हाका लागून तांची भलायकी इबाडटा अशे दोतोर आशीश देशपांडे हांणी पणजे आयोजीत केल्ल्या कार्यावळीत सांगले. alcohol anonymous ही संस्थाा 183 देशांनी मानसीक भलायकी,सोरो सोडवप तशेंच घटमुट भलायकीच्या मळार काम करता.गोयांतुय ह्या संस्थेचे महत्वाचे काम केला.**

**सृजनसाज**

सृजनसाज कुंकळ्यें, म्हाडोळ ह्या संस्थेन कला आनी संस्कृती खात्याच्या जोडपालवान 'सृजनविस्तार साज गोंयच्या लोककलेचो ' ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या. फाल्यां सां. ६ वरांचेर कुंकळ्येंच्या व्हॉलीबॉल मैदानाचेर ह्या सुवाळ्याचे उक्तावण जातलें. कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर रावतले. मानाचे सोयरे म्हूण जिल्हो पंचायत वांगडी दामोदर नाईक हाजीर रावतले. हेर मानेस्तांमदी सरपंच, वेलिंग प्रियोळ कुंकळ्ये ग्रामपंचायत दिक्षा सतरकर , पंच वांगडी हर्षा गावडे रंगनाथ कुंकळ्येकर हाजीर आसतले अशी माहिती सृजनसाज कुंकळ्यें, म्हाडोळ ह्या संस्थेचे अध्यक्ष सुषमा गावडे ,सचीव गौरेश गावडे ,खजिनदार अस्मिता कुंकळकार आनी संयोजक दुर्गेश कुंकळकार हांणी दिली.

**शिरोडाच्या श्री कामाक्षी**

शिरोडाच्या श्री कामाक्षी संस्थांनच्या नवें मुखेल महाद्वार आनी नव्यान बांदिल्ल्या श्री शांतादुर्गा सभाघराचें उक्तावण श्री संस्थान गोकर्ण पर्तगाळ जिवोत्तम मठाधीश, परम पूज्य श्रीमद् विद्याधीश तीर्थ श्रीपाद वदेर स्वामीजी हांच्या हस्तूकी जाले. ह्या वेळार देवस्थान समितीचे अध्यक्ष राजन वासुदेव कामत बुडकुले, सचीव सिद्धेश अशोक पै रायकर, कोषाध्यक्ष सचिन श्रीकांत पै बीर, मुखेल सचीव राजन अनंत पै फोंडेकर, आनी हेर समितीचे पदाधिकारी हाजीर आशिल्ले.

स्वामी महाराजाक देवस्थान समितीन येवकार दिलो. देवळाच्या आवारांतल्या सगळ्या देवांचें दर्शन करून श्री कामाक्षी देवळांत देवस्थान समितीच्या अध्यक्षान स्वामी महाराजाची पाद्य पूजा केली. ह्या वेळार जाल्ल्या आशीर्वाद सुवाळ्या उपरांत आपल्या उलोवपांत स्वामी महाराजान कामाक्षी देवीचो वैभव अफाट आसा, देशभरांतले आनी परदेशांतले भक्त व्हड प्रमाणांत अमावस्या उत्सव मनयतात आनी नवसाक पावपी देवी ही अशी एक आख्यायिका आसा अशें सांगलें. आशीर्वादाचेर उलोवपा उपरांत भक्तांनी श्री कामाक्षी देवस्थान चौकाचेर स्वामी महाराजाच्या संकल्पा प्रमाण श्री रामाचें नांम जप केलें. ह्या प्रसंगाचेर सभाघराचे वास्तुकार सचिन पै रायकर, बांदकाम कंत्राटदार उमेश शिरोडकर, आनी विद्युत कंत्राटदार गिरीश करे हांची स्वामी महाराजांच्या हस्तुकी भोवमान जालो. राम नांमाच्या जपांत आनी पुराय कार्यावळींत शेंकड्यांनी भक्तांनी वांटो घेतलो आनी कार्यावळीचो येसस्वी समापन जाले. ह्या निमतान स्वामी महाराजान हाजीर आशिल्ल्या भक्तांक प्रसाद वांटलो.

**बुलबुल बाल चित्रपट महोत्सवाचो समारोप**

मडगाव: मडगावच्या रवीन्द्र भवनात फाटले पाच दिस चालू आशिल्ल्या बुल बुल आंतरराष्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सवाचो आयज समारोप सुवाळो आसलो. समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हे ह्यावेळार मुखेल सा◌ेयरे म्हूण जाल्यार मडगावचे आमदार दिगंबर

कामत हे खास सोयरे म्हूण ह्या सुवाळ्याक हाजीर आसात. सध्या हो सुवाळाे रवीन्द्र भवनात चालू अासा.

गाेंय सरकारच्या म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याच्या पालवान घडोवन हाडिल्लो हो महोत्सव फाटले पाच दिस चालू असून संवसारांतल्या वेगवेगळ्या देशांतले सुमार ८० चित्रपट आनी लघुपटांचे तातूंत प्रदर्शन जाले. हो महोत्सव पळोवपाक गोंयच्या वेगवेगळ्या शाळांतल्यान विद्यार्थी आयिल्ले. तांचे खातीर वेगवेगळ्या सर्ती घडोवन हाडिल्ल्यो. काल ह्या महोत्सवात विद्यार्थ्याखातीर रोबाेटिक्स आणि आर्टिफिशियल एन्टीलिजंट ह्या विशयावेर कार्यशाळा जाल्ली.

**लिएंडर पेस कडल्यान गोंयांत खेळां अकादमी सुरू करपाची येवजण**

मडगाव: मूळ गोंयकार आशिल्लो भारताचो म्हान टेनिस खेळगडो लिएंडर पेस हाणें गोंयाविशीं आपलाे उक्तायताना गोंयांतल्यान बरे टेनिस खेळगडे तयार जावचे अशी इत्सा उक्तायली. त्या खातीर गांेंयांत खेळां अकादमी सुरू करपाची आपली येवजण आसा. येत्या त्या १८ म्हयन्यात ह्या प्रकल्पाविशीं निर्णय जातलो अशेे तांणी सांगलें.

मडगावच्या बीपीएस क्लबात आयज लिएंडर पेस हांचेकडेन उदेंत्या टेनिस खेळगड्या खातीर संवाद घडोवन हाडलो. गोंयांतल्यानय बरे खेळगडे मुखार येवंक जाय. जे संवसारीक पांवड्यावेले खेळगडे आसतले आनी देशांक ऑलिंपिक पदकां हाडपाची तांक तांचेमदीं आसतली. हेच खातीर आपली अकादमी ह्या खेळगड्यांक तयार करपाचे काम

करतली. हे अकादमींत टेनिस खेळाचेर चड भर दितले अशें तांणी सांगलें.

भारताचो म्हान  टेनिस खेळगडो आशिल्ल्या लिएंडर पेस हाचो आंतरराष्ट्रीय टेनिस हॉल ऑफ फेम पदक दिवन भोवमान केल्लो. हें पदक हांव म्हजी मूळ भुंय गोंयाक आनी गोंयच्या लोकांक समर्पित करतां अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हाजीर आशिल्ले. लिएंडर पेस हाका गोंयचो खूब मोग आसा. गोंयचो तांकां सदांच अभिमान आसा. नव्या खेळगड्यांक ताच्या पावलांचेर पावल दवरून मुखार वचपाचो यत्न करचो अशें आवाहन तांणी केलें. बीपीएस क्लबाचे अध्यक्ष योगिराज कामत हांणी ह्या संदर्भार सगळ्यांक येवकार दिलो.